# राश्ट्रीय खबरो

**5 जानेवारी 2025,**

**सांजेची 6.30 वरां.**

प्रधानमंत्री 180

भारत बेगीनूच संवसारातली तिसरी व्हड अर्थवेवस्था जातलो असो विश्वास प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उक्तायला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या हस्तुकीं आयज राजधानी दिल्लींत रेल्वे, मॅट्रो आनी भलायके संबंधीत 12 हजार 200 कोटी रूपयांच्या येवजण्यांचे उक्तावण आनी लोकार्पण जालें. ते निमतान रोहिणी हांगासर जाल्ल्या कार्यावळींत ते संबोधीत करतनां उलयताले.

येता त्या 25 वर्सांनीं भारत विकसीत देश जाल्लो आमकां पळोवंक मेळटलो आनी दिल्लीक ह्या विकसीत देशाची राजधानी म्हणून अदीक विकसीत करपाचो हावेस प्रधानमंत्र्यांनी उक्तायलो.

दिल्ली- गाझियाबाद- मेरठ नमो भारत कॉरिडोराच्या 13 किलोमिटर लांबायेच्या विस्तारीत मार्गाचें उक्तावण करून तांणी दिल्लीक पयल्या नमो भारत रेल्वे गाडयेची भेट दिली.

दिल्ली मॅट्रोच्या चवथ्या पावंड्यार विठाला कुंडली वाठाराचो बुन्यादी फातर प्रधानमंत्र्यांनी बसयलो. दिल्लीतल्या रोहिणी हांगासरल्या केंद्रीय आयुर्वेदीक संशोधन संस्थेच्या नव्या अत्याधुनिक इमारतीच्या कामाचें भुमी पुजन लेगीत तांचे हस्तुकीं जालें. ह्या कार्यावळी पयलीं प्रधानमंत्र्यांनी गाजियाबाद जिल्हयातल्या साहिबाबाद रेल्वे स्थानक ते दिल्लीतल्या न्यू अशोक नगर रेल्वे स्थानका मजगतीं नमो भारत रेल्वेन प्रवासूय केलो. प्रवासा मजगतीं तांच्यांनी शाळेतल्या विद्यार्थ्यांकडेन संवाद साधलो. ह्या माणकुल्या भुरग्यांनी प्रधानमंत्र्यांक कविता म्हणून दाखयल्यो तशेंच स्वता काडिल्लीं चित्रांय भेट

दिलीं. ते उपरांत वेगवेगळ्या येवजण्यांचें आनी प्रकल्पाचें उक्तावण, लोकार्पण आनी पायाभरणी प्रधानमंत्र्यां हस्तुकीं जाली.

---

Ashwini Vaishnaw – 145

नागरिकांच्या डेटाची आनी तांच्या हक्कांची राखण करपा खातीर डिजिटल वैयक्तिक डेटा संरक्षण नेम-2025 च्या मसुद्यांत तरतुदी केल्यात अशें केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रगिन्यान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. आकाशवाणी न्यूजाक दिल्ले खाशेली मुलाखतींत मंत्री वैष्णव हांणी नेमाच्या मसुद्याचे तीन मुखेल घटक आसात अशें सांगलें.

---

एचएमपी 100

फाटल्या कांय दिसां सावन चीनांत एचएमपी ह्या विशाणुंतल्या पसरपी दुयेंसाचो प्रकोप नेटान वाडत आसा . केंद्र सरकार ताचेर बारीक नदर दवरून आसा अशें केंद्रीय भलायकी मंत्रालयान सांगलां. आय.सी.एम.आर म्हळ्यार भारतीय वैजकी संशोधन मंडळान फुडल्या कांय दिसांनी देशांत एचएमपी चांचणी करपी प्रयोगशाळांचो आंकडो वाडयतले आनी वर्साच्या काळांत ह्या दुयेंसाच्या एकंदर प्रवृत्ती आनी प्रकाराचेर नियंत्रण दवरतले अशें मंत्रालयान सांगलां.

हे संबंदी हालीं घडिल्ल्या घडामोडींचोय नियाळ घेवपा खातीर मंत्रालयान नवी दिल्लींत जोड बसका घेतली. सध्या भारतांत भियेवपा सारकी परिस्थिती ना अशें भलायकी सेवा महासंचालक डॉ.अतुल गोयल हांणी हे बसकेंत सांगलें. भारतांत स्वासा संबंदीत दुयेंसां विशीं योग्य उपचार आनी जागृताय आसा अशें तांणी सांगलें.

---

छत्तीसगढ 35

छत्तीसगडांत सुरक्षा दळान केल्ल्या सोद मोहिमे वेळार जाल्ले चकमकींत 4 माओवाद्यांक मरण आयलें. तांच्यो कुडी सुरक्षा दळान ताब्यांत घेतल्यांत आनी तांचे कडल्यान व्हड प्रमाणांत शस्त्रां आनी दारुगुळो जप्त केला. ह्या चकमकींत एक जवान शहीद जालो.

हवामान 115

भारतीय हवामान विभागान जम्मू- काश्मिर, लडाख आनी हिमाचल प्रदेशांत आयज मध्यम ते बारीक पावस आनी हिमवर्षावाची शक्यताय उक्तायल्या. तशेंच पंजाब, हरयाणा, चंडीगढ आनी वायव्य उत्तर प्रदेशांत ह्या दोन दिसांत गडगड्या सयत पावसाची शक्यताय लेगीत हवामान विभागान उक्तायल्या.

फुडल्या तीन दिसांत वायव्य भारतांत उण्यांत उणें तापमान 2 ते 3 अंश सेल्सियस अंशानीं वाडटलें असो अदमास हवामान विभागान उक्तायला. जम्मू-काश्मीरांत हवामान खात्यान अस्तंती अडचणीचो सक्रीय अदमास काडला, जाका लागून जम्मू-काश्मीराच्या चडशा वाठारांनी सोमारा सकाळीं मेरेन व्हड प्रमाणांत बर्फ पडटलो आनी त्याच काळांत जम्मूच्या मळांचेर मध्यम पावस पडपाचो अदमास आसा. उत्तराखंडांत आयज चडशा जिल्ह्यांनी हवामान निवळ आशिल्लें. उत्तरकाशी सयत राज्यांतल्या उंचायेच्या वाठारांनी फुडलीं 36 वरां पावस आनी बर्फ पडपाची शक्यताय आसा अशी म्हायती आमच्या खबराकारान दिल्या.

---

Railway Mahakumbh – 70

उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराजांत जावपी कुंभ मेळ्या खातीर रेल्वे 13 हजार गाडयो चलयतली. हातूंत 10 हजार नेमान चलपी गाडयोआनी 3 हजार खाशेल्यो रेल्वे आसतल्यो. महाकुंभांत ह्यो गाडयो 50 दिसां परस चड काळ चलतल्यो. तातूंत मेळ्या उपरांत दोन-तीन दिसांचोय आस्पाव जाता. महाकुंभांत सुमार 40 कोटी लोक हाजीर रावपाची शक्यताय आसा.

उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराजांतलो महाकुंभ ह्या म्हयन्याचे 13 ते 26 फेब्रुवारी मेरेन चलतलो. गंगा, यमुना आनी सरस्वती न्हंयांच्या संगमाखातीर प्रयागराज प्रसिध्द आसा.